# बांदकाम कोयर वेवस्थापनाचेर परिशद

ता. 20 नोव्हेंबर 2018
29 कार्तिक 1940

गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळान आयज पणजेच्या ताज विवांता हॉटेलात नॉर्वेच्या सिनटॅफ कंपनीच्या जोडपालवान पर्यावरणाचो इबाड करीनासतना बांदकाम कोयराचे वेवस्थापन हया विशयाचेर आयोजित केल्ल्या एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचे उक्तावण गोंय सरकारचे शार उदरगत खात्याचे सचिव श्री. सुधीर महाजन हांचे हस्तूकीं जाले

हया वेळार गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळ आनी सिनटॅफ नॉर्वे हांचेमदी बांदकाम कोयर वेवस्थापनाखातीर समजीकाय करार जालो.

कोन्सूल जनरल (मुंबय) ॲन ओलेस्ताद, केंद्रीय भौशिक बांदकाम विभागाचे अतिरित सरसंचालक श्री.के.एम.सोनी, सिनटॅफ चे अधिकारी डॉ. ख्रिस्तीयान जे. एंजेल्सेन, डॉ. गौरव भाटीयानी, गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. संजीत रॉड्रिग्स, प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्यो वांगडी सचिव श्रीमती शर्मिला मोन्तेरो हया वेळार हजर आशिल्ल्यो.

श्री. महाजन हांणी बांदकाम कोयर वेवस्थापनाखातीर समजीकाय करार जाल्ले खातीर समाधान उक्तावण हया कराराक लागून बांदकाम कोयर वेवस्थापनाखातीर मदत जातली अशें सांगले.

ॲन ओलेस्ताद हांणी बांदकाम कोयर वेवस्थापनाखातीर आधुनिक तंत्रज्ञानाची देवाण-घेवाण म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगले.

सुरवेक श्री. संजीव रॉड्रिग्स हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. डॉ. गौरव भाटीयानी हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1751